**सरकारी नोकऱ्यांनी भलायकी सेवा दिवप्यांक प्राधान्य: मुख्यमंत्री**

ता. १ जुलय 2021

कोवीड म्हामारीचे तिसरे ल्हार आयले जाल्यार त्या ल्हाराचेर नियंत्रण दवरपाखातीर सरकारान पुराय तयारी केल्ली आसून ताचोच एक भाग म्हूण राज्यांत कोवीडाआड वासीनाचो पयलो डोस दिवपाचे काम ३० जुलय २०२१ मेरेन पुर्ण करपात येतले, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगले.

रविंद्र भवन, साखळी हांगा आयोजीत कार्यक्रमात दोतोर, नर्सी आनी हेर भलायकी कर्मचाऱ्यांचो भोवमान केले उपरांत उलयताना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी कोवीड म्हामारीच्या संकटाच्या पयल्या आनी दुसर्‍या ल्हाराच्या वेळार भलायकी कर्मचाऱ्यांनी केल्ल्या सेवेची तोखणाय केली.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी लोकांक कोवीड लस घेवपाचे आवाहन करून आतामेरेन आठ लाख लोकांनी वासिनाचो पयलो डोस घेतला अशें सांगले. सरकारान समित्यो स्थापन केल्यो, दोतोरांक प्रशिक्षण दिले आनी म्हामारीच्या दुयेंसाक फुडो करपाक आवश्यक आशिल्ल्या सगळ्यां उपकरणांची वेवस्था केली, अशें तांणी सांगले.

फुडें उलयताना डॉ सावंत हांणी प्रशासनात पदांची भरती करतना भलायकी सेवा केल्ल्या कर्मचाऱ्यांक आनी कामगारांक प्राधान्य दिवपाचो निर्णय सरकारान घेतला. म्हामारीच्या काळांत भलायकी सेवेतल्या कर्मचाऱ्यांनी आपल्या जीवाची पर्वा करीनासतना चोवीस तास सेवा दिल्या, अशें तांणी सांगले.

भलायकी सेवा संचालक डॉ. जोस डीसा, डॉ. राजेंद्र बोरकर, जि.पं. वांगडी श्री. गोपाळ सुर्लकर, रवींद्र भवनाचे उपाध्यक्ष विठोबा घाडी, भलायकी अधिकारी डॉ. उत्तम देसाय, सरोज देसाई आनी हेरांची ह्या वेळार उपस्थिती आशिल्ली.

जि.पं. वांगडी श्री.गोपाळ सुर्लकर हांणी गोंय सरकार आनी मुख्यमंत्र्यान कोवीड म्हामारीची परिस्थिती हाताळपाखातीर योग्य वेवस्थापन आनी सुविधा उपलब्ध केल्ले खातीर तोखणाय केली.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/5

--

Issued by Department of Information & Publicity